२०-०१-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो :

- डोनाल्ड ट्रम्प आयज अमेरिकेचे ४७ वे राष्ट्राध्यक्ष म्हूण सोपूत घेतले.
- ५५ व्या WEF म्हळ्यार जागतिक आर्थिक मंचाची वर्सूकी बसका आयजसावन स्वित्झर्लंडातल्या दावोसात सुरू जातली.
- अखिल भारतीय अध्यक्ष अधिकाऱ्यांची परिषद आयज पाटणात सुरू जातली.
- भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या पांच दिसांत अस्तंत हिमालय, जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांत पावस आनी बर्फ पडपाचो अदमास उक्तायला .
- पयल्या खो खो संवसारीक कप सर्तीत भारताच्या दादल्यांच्या आनी बायलांच्या दोनूंय पंगडान वस्तादपण मेळोवन इतिहास घडयलो

दिल्ली विधानसभा वेचणूक - ७०

दिल्ली विधानसभा वेचणूकेखातीर उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाचो आयज निमणो दिस आसा. ७० विधानसभा सुवातांखातीएर ७१९ उमेदवार रिंगणात आसात. मुखेल वेचणूक अधिकाऱ्यांनी दिल्ल्या म्हायती प्रमाण १,५२२ नामांकन अर्जांपेकी

४७७ अर्ज रद्द केल्यात. दिल्ली विधानसभा वेचणूकेखातीर मतदान फुडल्या महिन्याच्या ५ तारखेक जातले. मतमेजणी ८ फेब्रुवारीक जातली.

ईपीएफओ - ८०

कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटनेन वांगड्यांची प्रोफाइल अपडेट करपाची ऑनलाइन प्रक्रिया आता सोपी केल्या. ज्या वांगड्यांकडेन आधार प्रमाणित खाते क्रमांक आसा ते तांचे संबंधित तपशील अपडेट करूंक शकतात. आता हेखातीर कागदपत्रा अपलोड करपाची गरज ना.  कामगार आनी रोजगार मंत्रालयान म्हळा. ज्यांच्यो विनवण्यो वेगवेगळ्या पावंड्यार प्रलंबित आसात त्या ३ लाख ९० हजार वांगड्यांक ह्या दुरुस्तेचो फायदो जातलो, अशें मंत्रालयान म्हळा. सगळ्या वांगड्यांक अखंड सेवा दिवपाखातीर संस्थेच्या डेटाबेसात तांची  प्रामाणिक वैयक्तिक माहिती आसप म्हत्वाचे आसा. १ ऑक्टोबर २०१७ वर्साच्या आदीच्या खात्यांमदलो डेटा अपडेटखातीर नियोक्त्याकडल्यान प्रमाणपत्र घेवप गरजेचे आसतले.

MANDVIYA- 80

कामगार आनी रोजगार मंत्री DR मनसुख मांडवीया आयज नवी दिल्लींत अनौपचारीक क्षेत्रांतल्या कामगारांक औपचारीकीकरण आनी समाजीक सुरक्षेचा आवाठाचे  ह्या विशयाचेर दोन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय परिसंवादाचें उक्तावण करतले. अनौपचारीक कामगारांक समाजीक संरक्षण वाडोवपाक भागधारकांची क्षमता वाडोवप हो ह्या परिसंवादाचो मुखेल हेत आसा. ह्या परिसंवादांत धोरण

निर्माते, समाजीक सुरक्षा प्रशासक, आनी आशिया-पॅसिफीक वाठारांतल्या देशांतल्या समाजीक सुरक्षा संघटनांचे तज्ञ आनी हेर भागधारकांचे गट एकठांय येतले .

मन की बात - ६०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अंतरीक्ष संशोधनातल्या भारताच्या इतिहासिक कामगिरीची आनी आधुनिक अंतराळ तंत्रगिज्ञानातल्या वाडट्या पराक्रमाची तोखणाय केल्या. ते काल आकाशवाणीवेल्या २०२५ वर्साच्या पयल्या मन की बात कार्यावळीत उलयताले. देश अंतराळ तंत्रगिज्ञानात नवो मापदंड स्थापन करीत आसा अशेंय तांणी हेवेळार सांगले. नवनिर्माण करपी तशेच फुडारातल्या आव्हानांक फुडो करपी शास्त्रज्ञ देश घडयता,अशेंय तांणी हेवेळार सांगले.

भारतीय अंतरीक्ष संशोधन संस्थेने (इस्रो) हालीच केल्ल्या उपगि-यांच्या अंतराळ डॉकिंगची प्रधानमंत्र्यांनी हेवेळार तोखणाय केली. 75व्या प्रजासत्ताक दिसाचे फांटभुयेर प्रधानमंत्र्यानीं लोकांक आदींच परबीं दिल्यांत. संविधानाची अंमलबजावणी जावन 75 वर्सां पुराय जाल्ल्यान ह्या वर्साच्या प्रजासत्ताक दिसाक खाशेलें म्हत्व आसा अशें तांणी सांगलां.

बाबा साहेब आंबेडकर, डॉ राजेंद्र प्रसाद आनी डॉ श्यामा प्रसाद मुखर्जी सयत संविधान सभेच्या सगळ्या वांगड्यांक प्रधानमंत्री मोदी हांणी नमन केलां. ह्या व्हड फुडाऱ्यांच्या विचारांतल्यान देशांतल्या लोकांनी प्रेरणा घेवची अशें तांणी सांगलें.

25 जानेवारी हो राष्ट्रीय मतदार दीस असोय उगडास तांणी प्रेक्षकांक केलो. संविधानांत वेंचणूक आयोगाक आनी लोकशायेंत लोकांच्या सहभागाक व्हड म्हत्व दिला आनी फाटल्या दशकांत देशाची लोकशाय बळिश्ट आनी गिरेस्त जाल्या अशें तांणी सांगलें. वेंचणूक आयोगान तंत्रगिन्यानाचो वापर करून लोकशाय घटमूट केल्या अशें सांगून नागरिकांनी लोकशाय प्रक्रियेचो एक भाग जावचो आनी वेळोवेळ मतदानाचो हक्क वापरून ती घटमूट करची अशें आवाहन केलें.

डोनाल्ड ट्रम्प - १२०

डोनाल्ड ट्रम्प आयज अमेरिकेचे ४७ वे राष्ट्राध्यक्ष म्हूण सोपूत घेतले. भारतीय वेळेप्रमाण राती ८.३०क अमेरिकेचे मुखेल न्यायाधीश जॉन रॉबर्ट्स हांच्या हजेरेत वॉशिंग्टन डीसीत हो सोपूतविधी सुवाळो जातलो. अधिकृत सत्ता हस्तांतरणाच्या सुवाळ्यात लेगित ट्रम्प उलोवप करतले. उपराश्ट्राध्यक्ष म्हूण जे. डी. व्हान्स लेगित आयज सोपूत घेतले.

ह्या सोपूतविधी सुवाळ्याक हेर देशांचे राजकारणी हजर रावपाची शक्यताय आसा. हातूंत अर्जेंटिनाचे राश्ट्राध्यक्ष जेवियर मिले, इटलीचे राश्ट्राध्यक्ष जॉर्जिया मेलोनी, इक्वेडोरचे राश्ट्राध्यक्ष डॅनियल नोबोआ, एल साल्वाडोरचे राश्ट्राध्यक्ष नायब बुकेले, ब्राझीलचे आदले राश्ट्राध्यक्ष जैर बोल्सोनारो आनी पोलिशचे माजी राश्ट्राध्यक्ष मातेज मोराविक हांचो हातूंत आस्पाव आसा. विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर भारताचे फुडारपण करतले. आमंत्रित सोयऱ्यां मदीं टेस्लाचे एलान मस्क, ॲमेझॉनाचे जेफ बेजोस, मेटाचे मार्क जुकरबर्ग, एपलाचे टिम कूक आनी

ओपन एआयचे सॅम आल्टमन हांचो आस्पाव आसा. सोपतविधीआदी, ट्रम्प हांणी काल राती वॉशिंग्टन डीसीत एका जैतीवंत रॅलीत आपल्या समर्थकांकडेन उलोवप केले.

सैफ अली खान - ४०

अभिनेतो सैफ अली खानाचेर जाल्ल्या हल्ल्या संबंदात आरोपी बांगलादेशी नागरिक शरीफुल इस्लाम शहजादाक मुंबयच्या न्यायालयान पांच दिसांच्या पुलीस बंदखणेत धाडला. सैफ अली खानाचेर हल्लो करून जखमी केल्ल्याचो आरोप ताचेर आसा. काल सकाळीं मुंबय पुलिसांनी आरोपीक ठाणेच्या लेबर कॅम्प वाठारांतल्यान अटक केली, थंय तो रेस्टॉरंटांत काम करतालो.

WEF - ६०

५५ व्या WEF म्हळ्यार जागतिक आर्थिक मंचाची वर्सूकी बसका आयजसावन स्वित्झर्लंडातल्या दावोसात सुरू जातली. पाच दिसांच्या ह्या कार्यावळीवेळार, भारताच्या समावेशक विकासाचे आनी डिजिटल क्रांतीचे मॉडेल उजवाडाक हाडटले. भारतीय शिष्टमंडळाचे फुडारपण माहिती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांच्यासयत जलशक्ती मंत्री सी.आर. पाटील, नागरी विमान येरादारी मंत्री के. राममोहन नायडू, अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री चिराग पासवान आनी कौशल्य विकास आनी उद्देजकता राज्यमंत्री जयंत चौधरी करतले.

अध्यक्ष अधिकाऱ्यांची परिषद - ६०

अखिल भारतीय अध्यक्ष अधिकाऱ्यांची परिषद आयज पाटणात सुरू जातली. लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला दोन दिसांच्या ह्या परिषदेचे उक्तावण करतले. ४३ वर्सांच्या अंतराउपरांत बिहारात ही परिषद जाता. देशातल्यो वेगवेगळ्यो विधिमंडळ संस्था, लोकसभा आनी राज्यसभा हांचे अध्यक्षीय अधिकारी ह्या बसकेत हजर रावतले. 'संविधानाचो ७५ वा वर्धापन दिस: संविधानिक मूल्यांक बळगे दिवपाक संसद आनी राज्य विधिमंडळांचे योगदान' हो ह्या परिषदेचो विषय आसा.

टपाल विभाग - ६०

भारतीय संविधानाच्या अंमलबजावणेक ७५ वर्सां पूराय जाल्या निमतान टपाल विभागान आयज नवी दिल्लीत तीन दिसांचा कार्यावळीचे आयोजन केला. ही कार्यावळ राष्ट्रीय फिलाटेलिक संग्रहालयात जातली. ह्या महोत्सवात सगळ्या पिरायगटातले लोकांक वेगवेगळे उपक्रम आसतले. हातूंत प्रदर्शन, प्रश्नमंजुषा, पोस्टल सफारी आनी पत्रलेखन सर्तीचो आस्पाव आसा.

संविधानांत आस्पाव केल्ल्या मुल्यांचेर भर दिवप आनी एकचार आनी राश्ट्रीय अभिमानाची भावना घटमूट करप हो ह्या कार्यावळीचो मुखेल हेत अशें संचारण मंत्रालयान म्हळा.

IMD-160

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या पांच दिसांत अस्तंत हिमालय, जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांत पावस आनी बर्फ पडपाचो अदमास उक्तायला .  भारतीय  हवामान खात्याचे शास्त्रज्ञ डॉ नरेश कुमार हांणी , पंजाब, हरियाणा, अस्तंत उत्तर प्रदेश, दिल्ली एनसीआर आनी उत्तर राजस्थानांत बिरेस्तारा आनी आयतारा पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे सांगला .तशेंच फुडल्या तीन दिसांत वायव्य भारतांतल्या मळां वयल्यान उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 डिग्री सेल्सियस वाडटलें असोय  अदमास हवामान खात्यान उक्तायला  . तशेंच उत्तराखंड, अस्तंत राजस्थान, मध्य प्रदेश, पंजाब, हरियाणा, उत्तर प्रदेश, उदेंत राजस्थान, बिहार, ओडिशा, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरा हांगा  फुडल्या दोन दिसां मेरेन दाट धुक्याची  परिस्थिती चालूच उरपाची शक्यताय आसा असो अदमास उक्तायला  .

खो खो - २००

पयल्या खो खो संवसारीक कप सर्तीत भारताच्या दादल्यांच्या आनी बायलांच्या दोनूंय पंगडान वस्तादपण मेळोवन इतिहास घडयलो. इंदिरा गांधी इनडोअर स्टेडियमात काल जाल्ल्या निमण्या खेळात  भारतीय पंगडानी बेसबरी रणनीती आनी बेसब-या खेळाचे प्रदर्शन केले. भारताच्या दादल्यांच्या पंगडान नेपाळ पंगडाक  ५४आड३६ अशें हारयले. तेआदी, भारतीय बायलांच्या पंगडान निमण्या खेळात नेपाळ पंगडाक ७८ आड ४० अशें हारयले.

खो खो संवसारीक वस्तादपण सर्तीतलो निमणो खेळ पळोवपाक केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू, आदल्यो लोकसभा अध्यक्षा सुमित्रा महाजन आनी ओडिशाचे खेळा मंत्री सूर्यवंशी सूरज हाजीर आशिल्ले.

हो एक इतिहासिक खीण आसा - पंगडान आपली धोरणात्मक योजना राबोवन जैत मेळयले अशें ह्या जैता उपरांत, भारतीय दादल्यांच्या पंगडाचे प्रशिक्षक अश्विनी कुमार शर्मा हांणी म्हळे.

कर्णधार म्हूण हो एक अभिमानाचो आनी अविस्मरणीय खीण. प्रेक्षकां कडल्यान मेळिल्ल्या आदाराक लागून पुराय पंगड उपकारी आसा अशें भारताचो कर्णधार प्रतीक वायकर हांणे सांगले.

भारतीय बायलांच्या पंगडाचे प्रशिक्षक सुमित भाटिया हांणी नेपाळच्या खेळाची तोखणाय केली. नेपाळ पंगडान बेसबरी झूंज दिली. पूण ब-या रणनीतीक लागून आमका जैत मेळ्ळे अशेंय तांणी म्हळे. भारतीय बायला पंगडाची कर्णधार प्रियांका इंगळेन हे जैत खेळगडे आनी प्रशिक्षक दोगांच्याय खर परिश्रम आनी समर्पणाचे आसा अशें म्हळा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारताच्या दादल्यांच्या आनी बायालांच्या खो खो पंगडाक परबी भेटयला. आयज भारतीय खो खोखातीर हो एक व्हड दिस आसा अशें मोदीं हांणी सोशल मीडिया पोस्टात म्हळा.